३०-०१-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो :

मुखेल खबरो :

- संसदेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या आदीं सरकारान आयज नवी दिल्लींत सर्वपक्षीय बसका आपयल्यात.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल केंद्रीय मंत्रीमंडळान गंभीर खनिजां संबंदी घेतिल्ल्या निर्णयाक आत्मनिर्भरतेचें म्हत्वाचें पावल अशें म्हणलां.

- महाकुंभातल्या सुरक्षा व्यवस्थेचो नियाळ घेवपाखातीर उत्तर प्रदेशचे मुखेल सचिव आनी पोलिस महासंचालक आयजप्रयागराजाक भेट दितले.

- अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी क्युबातल्या ग्वांतानामो बेतल्या अमेरिकन नौदल तळाचेर ३०,००० लोकांची क्षमता आशिल्ले स्थलांतरित बंदखण केंद्र बांधपाची घोषणा केल्या.

- दादल्यांच्या हॉकी इंडिया लीग सर्तीत, तमिलनाडु ड्रैगन्स आनी सूरमा हॉकी क्लब पंगडान सेमीफाइनलीत पावल घाले.

- भारताच्या डोम्मराजू गुकेश हांणे नेदरलँड्सातल्यातल्या टाटा स्टील बुद्धिबळ सर्तीत मास्टर्स प्रकारात आपली आघाडी कायम दवरल्या.

मोदी - १७०

गरिबांखातीर घरा, दिल्लीचे आधुनिकीकरण आनी दरेका घरात उदकाची सुविधा दिवपाक शकता अश्या सरकाराची दिल्लीतल्या लोकांक गरज आसा अशें प्रधानमंत्री आनी भाजपचे ज्येष्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा. ते काल दिल्लीतल्या यमुना खादर हांगा एका जाहीर सभेत उलयताले. आम आदमी पक्षाच्या फुडारपणाखालच्या दिल्ली सरकाराचेर तांणी भ्रष्टाचार आनी फटींगपण पातळील्ल्याचो आरोप केलो. काँग्रेस आनी आपच्या २५ वर्सांच्या राजवटीत दिल्लीतल्यो समस्या तश्योच आसात आनी दोनूंय पक्षांनी दिल्लीच्या उदरगतीखातीर कांयच करुंक ना अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी हेवेळार म्हळे.  राष्ट्रीय राजधानीत आजूनूंय येरादारी कोंयंडी, धूळ, फोणकूला, तुंबिल्ले सांडउदक,  आनी प्रदूषण ह्या सारक्यो समस्या आसात. दिल्लीत भाजप सरकार सत्तेत आल्याउपरांत जनतेक दिल्ली सगली आश्वासना दिल्ल्या वेळेत पूराय करतले ही मोदींची हमी आसा अशेंय तांणी सांगले. फाटल्या ११ वर्सातली सगली प्रलंबित कामा पूराय करतले आनी फुडल्या २५-३० वर्सांखातीरची तयारी करतले, अशेंय तांणी सांगले. यमुना प्रदूषणाविशी आम आदमी पक्षाचे अरविंद केजरीवाल हांच्या उलोवपाचेरुंय मोदीं हांणी टीका केली. प्रधानमंत्र्यांनी केजरीवाल हांचे आरोप निराधार आसा अशें म्हळे आनी तांका वेचणूक हारपाचो हुस्को आसा अशेंय म्हळे.तेआदी प्रधानमंत्री मोदीं हांणी महाकुंभातल्या दुखेस्त घडणूकेत मरण आयिल्ल्या कुटुंबियांविशी खर दुख उक्तायले. तांणी पीडित कुटुंबांविशी सहानुभूतीय उक्तायली.

मुखेल सचिव - ५०

प्रयागराजातल्या संगमात काल जाल्ल्या दुखेस्त घडणूके उपरांत महाकुंभातल्या सुरक्षा व्यवस्थेचो नियाळ घेवपाखातीर उत्तर प्रदेशचे मुखेल सचिव आनी पोलिस

महासंचालक आयज

प्रयागराजाक भेट दितले. काल जाल्ल्या चेंगराचेंगरीत तीस भाविकांक मरण आयिल्ले तर साठ जण जखमी जाले. जखमींचेर थळाव्या हॉस्पिटलात उपचार

सुरू आसा. आमच्या खबराकारान दिल्ल्या म्हायती प्रमाण ह्या वाठारात कडक सुरक्षा व्यवस्था दवरल्या.

ट्रम्प - ७०

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी क्युबातल्या ग्वांतानामो बेतल्या अमेरिकन नौदल तळाचेर ३०,००० लोकांची क्षमता आशिल्ले स्थलांतरित बंदखण केंद्र बांधपाची घोषणा केल्या. हे नवे केंद्र सध्याच्या उच्च-सुरक्षा बंदखणीपरस वेगळे आसतले आनी तातूंत खर गुन्यांवात दोषी आशिल्या बेकायदेशीर स्थलांतरितांक दवरतले.

मजगती, क्युबा सरकारान ह्या निर्णयाचेर खर टीका केल्या आनी ते बेकायदेशीर आनी अमानवीय आसा अशें म्हळा. ग्वांतानामो बे हे बऱ्याच तेपासावन वादाची सूवात जावन रावला. थंय ताब्यात घेतिल्या लोकांवर अत्याचार जाल्याची खबर आयल्यात.

**सू मोटो 70**

सू मोटो आरजी कार प्रकरणाची काल सर्वोच्च न्यायालयांत सुनावणी जाली. फाटल्या वर्सा ऑगस्टांत कोलकाताच्या आरजी कार हॉस्पिटलांत प्रशिक्षणार्थी दोतोराचेर क्रूरपणान जाल्ल्या आत्याचार आनी खूना उपरांत सुरू जाल्ली ही केस वैजकी वेवसायिकांचे सुरक्षे विशीं आसा. 22 जानेवारीक भारतीय मुखेल न्यायाधीश संजीव खन्ना, न्यायाधीश संजय कुमार आनी न्यायाधीश के व्ही विश्वनाथन हांच्या खंडपिठान वेळेचो उणाव आसा आनी ह्या प्रकरणांत तीन नवे अर्ज दाखल जाल्यात, देखून खटलो 29 जानेवारीक चालू उरतलो अशें सांगिल्लें.

**वक्फ 145**

वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक, 2024 विशीं संसदेचे संयुक्त समितीन आयज आपलो अहवाल मसुदो मान्य केलो. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना 31 वांगड्यांची समितीचे अध्यक्ष जगदंबिका पाल हांणी विधेयक संबंदीत 14 कलमांत दुरुस्ती समितीन मान्य केल्या अशें सांगलें. समितीचो अहवाल आयज लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला कडेन सादर करतले अशें तांणी सांगलें. फाटल्या स म्हयन्यांत ह्या विधेयकाचेर सविस्तर चर्चा जाल्या अशें पाल हांणी स्पश्ट केलें. वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक, 2024 चे उद्दिष्ट नोंदीचें डिजिटायझेशन, कडक ऑडिट, वाडिल्ली पारदर्शकता, आनी बेकायदेशीर रितीन व्याप्त वक्फ मालमत्ता परत मेळोवपा खातीर कायदेशीर यंत्रणा सयत म्हत्वाची सुदारणा हाडपाचो हेतू आसा. देशभरांतल्या वक्फ मालमत्तेचें वेवस्थापन आनी नियंत्रण सुदारपाचो हे विधेयक आसा.मजगतीं, पॅनलाच्या विरोधी वांगड्यांनी अहवालाक मान्यताय दिवपाचेर प्रस्नचिन्न उबें केलें. द्रमुक खासदार ए राजा म्हणले की, हा अहवाल घाईघाईन स्वीकारला. कॉंग्रेसचे नसीर हुसेन म्हराजान हो अहवाल उतावळपणान मान्य केलो अशें सांगलें. कॉंग्रेसीचे नासिर हुसेन सांगलां की, आपल्यो जायत्यो हरकती आनी सुचोवण्यो अहवालांत आस्पावना.

आयएसएल - १००

इंडियन सुपर लीग फुटबॉल सर्तीत, नॉर्थईस्ट युनायटेड एफसीन काल सांजे इंदिरा गांधी ॲथलेटिक स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात हैदराबाद एफसीचेर ४-१ अशें जैत जोडले आनी आयएसएल २०२४-२५ हंगामात लीग दोट्टी कामगिरी केली. १७ व्या मिनिटाक गुइलेर्मो फर्नांडिसान गोल केलो. अर्दवराच्या आदी अलायद्दीन अजरायीन हांणे फ्री-किक वरवी गोल करुन आघाडी दुपेटीन वाडयली.

हैदराबाद पंगडाच्या मनोज मोहम्मद हांणे ७० व्या मिनिटाक चुंगा हमारच्या फ्री-किकचेर गोल केलो. पूण ७९ व्या मिनटाक अशीर अख्तर हांणे तर ८९ व्या मिनिटाक मोहम्मद बेमामर हांणे गोल करुन नॉर्थईस्ट युनायटेड एफसीक जैत मेळोवन दिले.

आयज, चेन्नईयिन एफसी पंगड चेन्नईच्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमात केरळा ब्लास्टर्स एफसीशी पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ सांजे ७:३०क सुरू जातलो.

हॉकी - ८०

दादल्यांच्या हॉकी इंडिया लीग सर्तीत, तमिलनाडु ड्रैगन्स आनी सूरमा हॉकी क्लब पंगडान सेमीफाइनलीत पावल घाले.

काल सांजे बिरसा मुंडा हॉकी स्टेडियमात तामिळनाडू ड्रॅगन्स आनी यूपी रुद्र पंगडामदलो खेळ २-२ असो बादाबाद उरलो. त्याउपरांत तामिळनाडू ड्रॅगन्स पंगडान उपांत्य फेरीयेत पावल घाले. कालच्या दुसऱ्या खेळात, सुरमा हॉकी क्लबान पेनल्टी शूटआउटवरवी श्राची राढ बंगाल टायगर्स पंगडाचेर ३-० अशें जैत जोडून उपांत्य फेरीयेत पावल घाले. फाल्या पयल्या सेमिफायनलीत तामिळनाडू ड्रॅगन्स श्राची राढ बंगाल टायगर्स पंगडा आड खेळतलो, तर दुस-या सेमिफायनलीत जेएसडब्ल्यू सुरमा हॉकी क्लब हैदराबाद हरिकेन्स पंगडा आड जातलो.

**MORN. GOVT-ALL PARTY MEETING - 70**

संसदेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या आदीं सरकारान आयज नवी दिल्लींत सर्वपक्षीय बसका आपयल्या.हे बसकेंत सगल्या पक्षांच्या नामनेच्या फुडाऱ्यां कडेन चर्चा करतलें आनी अधिवेशन बरेतरेन चलचें हे खातीर पक्षांचो सहकार्य मागतले.

31 जानेवारीक संसदेच्या दोनूय सभाघरांच्या संयुक्त बसकेंत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांच्या अभिभाषणांत अर्थसंकल्पीय अधिवेशन सुरू जातलें. त्याच दिसा राष्ट्रपतीच्या अभिभाषणा उपरांत थोड्याच काळा खातीर लोकसभा आनी राज्यसभा दोनूय एकठांय जातली तेन्ना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण अर्थीक सर्वेक्षण मांडटल्यो. अर्थमंत्री शेनवारा केंद्रीय अर्थसंकल्प-2025-26 सादर करतल्यो.

**PM- CABINET DECISIONS - 85**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल केंद्रीय मंत्रीमंडळान गंभीर खनिजां संबंदी घेतिल्ल्या निर्णयाक  आत्मनिर्भरतेचें म्हत्वाचें पावल अशें म्हणलां. प्रधानमंत्र्यानी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत नॅशनल क्रिटिकल मिनरल मिशन-एनसीएमएम. हे संबंदी मंत्रीमंडळाच्या निर्णयाक लागून भारताच्या उच्च तंत्रज्ञान, नितळ उर्जा, संरक्षण आनी हेर मुखेल उद्देगांक उर्बा मेळटली अशे म्हळां. इथेनॉल खरेदीच्या सुदारीत दर संबंदींचो निर्णय इथेनॉल उत्पादन वाडोवपाक आनी मिश्रणाचे ध्येय साध्य करपाक मदत करतलो अशें तांणी सांगलें. हाका लागून कच्च्या तेलाची आयात उणी जातली, शेतकार सशक्त जातले आनी निवळ उर्जेचो प्रसार जातलो अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

हवामान - 90

हवामान खात्यान फुडल्या तीन ते चार दिसांत जम्मू-काश्मीर, लद्दाख-गिलगित-बाल्तिस्तान-मुझफ्फराबाद हांगा हलको र ते मध्यम पावस आनी बर्फ पडपाचो अदमास उक्तायला. शेनवारा मेरेन हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडांत अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. फुडल्या 5 दिसांत पंजाब, हरियाणा, उत्तर प्रदेश, राजस्थान, विदर्भा, मध्य प्रदेश आनी छत्तीसगड हांगा हलको ते मध्यम पावस पडूं येता अशें हवामान खात्यान सांगलां.तशेंच उत्तर प्रदेश, अस्तंत बंगाल, दर्यादेगेवेलो ओडिशा, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम ह्या वाठारांनी 1 फेब्रुवारी मेरेन रातच्या वेळार धुकें पडूं येता अशें हवामान खात्यान सांगलां. मजगतीं, आयज सकाळीं दिल्ली आनी राष्ट्रीय राजधानी प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी हळुवार धुकें दिसून आयलें.